भारत सरकार
GOVERNMENT OF INDIA

शिक्षा मंत्रालय
MINISTRY OF EDUCATION

काशी तमिळ संगमम 5.0 · तिरुक्कुरल पयिल्वोम

# दरेक दिसा खातीर बारा कुरल

திருக்குறள் · Thirukkural · Thiruvalluvar

---

**391** கல்வி · Learning

**கற்க கசடறக் கற்பவை கற்றபின்**
**நிற்க அதற்குத் தக.**

शिकपाक जाय तें पुरायपणान शिकून घेवचें आनी शिकून जाले उपरांत ते प्रमाण जिणेंत त्या शिक्षणाचो उपेग करचो.

**423** அறிவுடைமை · The Possession of Knowledge

**எப்பொருள் யார்யார்வாய்க் கேட்பினும் அப்பொருள்**
**மெய்ப்பொருள் காண்ப தறிவு.**

गजाली खंयच्याय तरेन सादर केल्यार वास्तवताय निश्चीत करप म्हळ्यार बुद्धी.

**291** வாய்மை · Veracity

**வாய்மை எனப்படுவது யாதெனின் யாதொன்றும்**
**தீமை இலாத சொலல்.**

सत्य म्हळ्यार कितें? कोणाचींय चेश्टा ना करपी शब्द उलोवप म्हळ्यार सत्य.

**108** செய்ந்நன்றியறிதல் · Gratitude

**நன்றி மறப்பது நன்றன்று நன்றல்லது**
**அன்றே மறப்பது நன்று.**

हेरांनी केल्ले उपकार विसरप बरें न्हय,
पूण हेरांनी केल्ली चेश्टा तेन्नाच विसरप खूब बरें.

**152** பொறையுடைமை · The Possession of Patience, Forbearance

**பொறுத்தல் இறப்பினை என்றும் அதனை**
**மறத்தல் அதனினும் நன்று.**

सहनशील रावन अन्याय करप्यांक सदांच माफ करचें,
अदीक बरें तांकां आनी तांचीं केल्ली कृत्यां विसरचें.

**100** இனியவை கூறல் · The Utterance of Pleasant Words

**இனிய உளவாக இன்னாத கூறல்**
**கனியிருப்பக் காய்கவர்ந் தற்று.**

हातांत जेन्ना गोड उतरां आसतात आनी कोणूय खर उतरां वापरता, तेन्ना ताची गत गोड पिकिल्लें फळ सोडून कच्चें फळ पसंत करपा समान आसता.

**211** ஒப்புரவறிதல் · Duty to Society

**கைம்மாறு வேண்டா கடப்பாடு மாரிமாட்டு**
**என்னாற்றுங் கொல்லோ உலகு.**

संवसारान पावस-ढगांची केन्नाच परतफेड केली ना आनी पावस-ढग लेगीत आपलो वावर करीत रावतात कसल्याच मोबदल्याची अपेक्षा धरिनासतना. तशेंच आमीं आमचें कर्तव्य हें इनाम मेळोवचे खातीर करचें न्हय.

**991** பண்புடைமை · Courtesy

**எண்பதத்தால் எய்தல் எளிதென்ப யார்மாட்டும்**
**பண்புடைமை என்னும் வழக்கு.**

सगळ्यां वागंडा हावेस आनी सगळे वेव्हार सुलभ आसत तर ह्याच स्वभावाक शिश्टाचार मानतात.

**611** ஆள்வினை உடைமை · Manly Effort

**அருமை உடைத்தென்று அசாவாமை வேண்டும்**
**பெருமை முயற்சி தரும்.**

खंयचेंच काम आपल्याक अशक्य आसा अशें मानून उत्साह सोडचो न्हय. यत्न केल्या उपरांत कार्य क्षमताय आपूणच सिद्द जातली.

**621** இடுக்கண் அழியாமை · Hopefulness in Trouble

**இடுக்கண் வருங்கால் நகுக அதனை**
**அடுத்தூர்வது அஃதொப்ப தில்.**

संकट येता तेन्ना हुस्को सोडून प्रसन्न रावपाक जाय, दुर्भाग्याचेर हांसपाक जाय. संकटाचेर जैत मेळोवपाक हाचे इतलें सक्षम दुसरें कांयच ना.

**945** மருந்து · Medicine

**மாறுபாடு இல்லாத உண்டி மறுத்துண்ணின்**
**ஊறுபாடு இல்லை உயிர்க்கு.**

शरिराक गरज आसा तितलो आहार योग्य प्रमाणांत, योग्य वेळार गरज आसा तितलोच जर खाल्लो तर आमकां आमचो देह संकटांत घालपी, आमकां मरण हाडपी कसल्याच तरेचें दुयेंस जावचें ना.

**972** பெருமை · Greatness

**பிறப்பொக்கும் எல்லா உயிர்க்கும் சிறப்பொவ்வா**
**செய்தொழில் வேற்றுமை யான்.**

सगळीं मनशां एकाच तरेन जल्माक येतात, पूर्ण जीण मात वेगवेगळ्या तरेन जगतात आनी तांची कीर्त लेगीत तांच्या कर्मांच्या असमानतायेक लागून वेगवेगळी जाता.

---

**काशी तमिळ संगमम 5.0** · तिरुक्कुरल पयिल्वोम
शिक्षण मंत्रालय, भारत सरकार
केंद्रीय अभिजात तमिळ संस्था (CICT), चेन्नई
अणकार © केंद्रीय अभिजात तमिळ संस्था, चेन्नई · CC BY 4.0

kts.cict.in